**राज्य कार्यकारी समीतीचो गोंयात कोविड -19 स्थितिचो आडावो**

पणजी, 17 मे 2020

वैशाख 27.1942

मुख्य सचीव श्री परिमल राय हांच्या अध्यक्षतेखाला 1 मे 2020 तारखेक जाल्ल्या राज्य कार्यकारीणी समितिच्या( एसईसी) बसकेत विज्ञान आनी तंत्रतज्ञानाचें प्रधान सचीव श्री.पुनीत गोयल, श्री एस. के. भंडारी, सचीव संजय कुमार सचीव  सचीव महसूल, सदस्य सचीव एसईएस आनी एसडीएमए हाजीर आसले.

आमंत्रीत अधिकारी म्हणून दौलत ए हवालदार, वित्त सचीव, सुभाष चंद्र, पीसीसीएफ, श्री, जसपाल सिंग, आयजीपी,श्री कुणाल, मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्रीमती श्री. मोहनन आरोग्य सचीव श्री. पी एस रेड्डी,सचिव (मत्सवेवसाय), श्री. जे. अशोक पर्यटन सचीव श्री. संजय गृह, पंचायत सचीव, श्री. सी. आर. गर्ग कायदो सचीव, सुश्री ईशा खोसला,  नागरी पुरवठो सचीव आनी कुसदीप गांगर, सचीव एएच  आनी पशुवैद्यकिय सेवेचे अधिकारी हाजीर आसले.

प्रवाशामदी हालीच घडलेल्या सकारात्मक घटनेउपरांत एसईसीन निर्णय घेतला की भायरसावन येतल्या प्रत्येक व्यक्तीची चाचणी करपाची पध्दत चालू दवरप आवश्यक आसा. टेस्टींगच्या किमतीचेर लोकाकडल्यान पयशें घेतल्या विशीं चर्चा केली. विचार विनिमया उपरांत एसईसीन गोंयच्या आंतरराज्य चळवळ कक्ष रेल्वे आनी हेर अधिकाऱ्यांक कळोवपाचे निर्देश दिल्या की गोंयात येवपी खंयच्याय प्रवाशांची अनीवार्य चाचणी घेवची पडटली. चाचणी शुल्क रु. 2000 दर एका व्यक्तिक आकारतले. जे आयुष्यमान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य योवजणे अंतर्गत वा हेर खंयच्याय सुट अंतर्गत खंयच्याय शासकीय कर्मचाऱ्याच्या  सवलती अतर्गत आसूंक जाय.

एसईसीन आंतरराज्य चळवळ कक्षात येवपी सगळ्या प्रवाश्यांक सेल्फ डिक्लरेशन फॉर्म भरपाखातीर ऑनलायन लिंकावांगडा (संलग्न स्वरूपांत ) मोठ्या संख्येन एसएमएस धाडपाचे आनी आरोग्य सेतू ॲप डावनलोड करपाचे निर्देश दिल्या. जर आवश्यक आसल्यार हे फॉर्म कागद स्वरूपांत रेल्वे स्थानकाचेर वा ट्रेनीत उपलब्द करून दिवपाची वेवस्था करूंक शकतले.

एसईसीन  स्पश्ट केला की श्रीं पी एस रेड्डी आयएएस समुद्रावरवीं वा विमानान येवपी सगळ्या व्यक्तीच्या हालचालीचेर देखरेख दवरतलें आनी आंतरराज्य चळवळ सेल रेल्वे आनी बस सेवे वरवीं व्यक्तीच्या हालचालीचेर नियंत्रण दवरतले. जिल्लो अधिकारी विविध चळवळीचे समन्वय करीत रावतले आनी श्री. पी.एस रेड्डी आनी आंतरराज्य चळवळ कक्ष आवश्यक सहकार्य दितलें.

नॉडल ऑफिसर (विदेशी) माहिती दिल्या की 1 मे 2020 तारखेक गोंय विमानतळा वयल्यान  36 विशेश फेरी विमाना   गोंयातल्यान विदेशांत सोडलेली आसा. एसडी. केटीसीएलान माहिती दिल्या की 14 मे 2020 तारखे सावन 178 बस सेवा कार्रत आसात. आयपीजीन माहिती दिल्या की पेलिसानी आतां मेरेन मुखोवटो वापरूंक नाशिल्यान 1007 आनी सार्जनिक जाग्यांचेर थुकपाच्या प्रकरणान 6064 जाणांचेर कारवाय केल्ली आसा. माहिती तंत्रज्ञान विभागाचें संचालक हांणी माहिती दिल्या की 17085 लोक राज्या भायर गेला 29 एप्रिल 2020 मेरेन 2129 लोकांनी गोंयात प्रवेश केल्लो आसा.

श्री. पुनित गोयल, विज्ञान सचीव आनी तंत्रज्ञान हांणी सांगला की, माननीय मुख्यमंत्र्याच्या निर्देशना खाला तांणी पत्रादेवी शीमेर भेट दिली. तांणी महाराष्ट्रातल्या सिंधुदुर्ग जिल्ल्याचें पालक मंत्री श्री. उदय सावंत हांची भेट घेतली. महाराष्ठ्राचो माननीय मंत्र्यांनी उपस्थीत केल्ल्या वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली.

गोंयातल्या शाळांनी शिक्षण घेवपी महाराषट्रातल्या विद्यार्थ्या खातीर शीमेलागच्या शाळेमदल्या खंयच्याय एका शाळेत बोर्डाची परिक्षा घेवंक शकतले.

समितीन सगळ्या संबंदितांक सांगला की एमएचएच्या आदेशा प्रमाणें खंयच्याय मनशान ह्या नियमानचे उल्लघ्यन केल्ले आसल्यार वा वयल्या निर्देशनाचे पालन केल्यार आपत्ती व्यवस्थापन अधिनेम 2005 च्या  51 ते 60 च्या तरतूदी प्रमाणें आयपीसी 188 अंतर्गत कायदेशीर कारवाय करतलें.

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA